राज्यातल्या माध्यमिक शाळांनी चलपी वेगवेगळ्या शिक्षणीक उपक्रमांक उर्बा मेळची ह्या हेतान ' सेलेब्रेटींग स्कुल लिडरशीप' कार्यावळ चालीक लावपाक प्राचार्यांनी मुखार येवंचे अशें आवाहन गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळान केलां. नवी दिल्लीच्या ‘शाळा फुडारपण केंद्रान’ २०१८ -१९ वर्सा सावन ही मोहीम चालू केल्या. आपल्या शाळेंत चलता ते उपक्रम व्हिडीयो फॉर्मेटांत नवी दिल्लीतल्या निपा केंद्राक धाडून दिवंचे अशे गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळाच्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी सांगलां. शिक्षणीक नेतृत्व, व्यावसायीक शिक्षण, भारतीय गिन्यान वाठारांतले नेतृत्व अशा वेगवेगळ्या वाठारांनी चल्लीले काम लक्षांत घेवन उत्कृष्ट शाळांची निवड करतले अशे गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळान कळींत केलां.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आयज सकाळी 11 वरांचेर राष्ट्रपती भवनान राज कुमार गोयल हांका केंद्रीय म्हायती आयोगाचे मुखेल आयुक्त म्हणून सोपूत दिलो.

20 डिसेंबराक जावपा आशिल्ल्य उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्या फाट्भुयेर गोय सरकारान येता त्या २० तारकेक भर-पगारि सुटि म्हल्यारुच ‘पेड हॉलिडे’ जाहीर केलया .

ही सुटी राज्यांतले उद्देगीक कामगार; सरकारी खातें आनी राज्य सरकारी उद्देगीक खात्यांतले दिसपट्टे पगाराचे कामगार; राज्यांतल्या खाजगी आस्थापनांचे वेपारी आनी उद्देगीक कामगार; खंयच्याय वेवसायांत, वेपारांत, उद्देगीक उपक्रमांत वा हेर खंयच्याय आस्थापनांत काम करपी कामगाराखतिर तशेच जिला पंचायत सार्वत्रिक वेंचणुकेंत मतदान करपाचो हक्क आशिल्ल्या दरेक्ल्या खतिर आसतली.

माज्गति उत्तर गोय जिल्हो पंचयतिचे अध्यक्शपद तर दक्शिन गोय जिल्हो पंचयतिचे उपाध्यक्शपद बायलाखातिर रखिव करपाचि आधिसुचना जारि केल्या.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं धर्मशाळात हिमाचल प्रदेश क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमाचेर जाल्ल्या पांच मॅचींच्या माळेंतल्या तिसऱ्या टी-20 खेळांत भारतान दक्षिण आफ्रिकेक सात विकेटींनी हारयलो. दक्षिण आफ्रिकेन दिलल्या 118 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना भारतान 15.5 ओव्हरींनी ३ बाद 120 धांवड्यो केल्यो. अभिषेक शर्मान सगळ्यांत चड 35 धांवड्यो केल्यो जाल्यार तिलक वर्मा 25 धांवड्यचेर नाबाद उरलो.

विज्ञान, तंत्रज्ञान खाते आनी गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या जोड पालवान अंदूचाे सातवो सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार विज्ञान महोत्सव अंदू 18 डिसेंबराक 9 थळांचेर जातलो. विद्यार्थ्यां खातीर 9 थळांचेर वैज्ञानिकांची व्याख्याना जातली. सकाळी णव ते दनपार देड मेरेन कार्यावळ जातली. हे वेळार आयआयएसी बंगळूरचे डॉ. साई गौतम गोपाळकृष्णन हांका मनोहर पर्रिकार युवा वैज्ञानिक पुरस्कारान सन्मानित करतले, अशी म्हायती महोत्सव समितीचे अध्यक्ष जुझे नरोन्हा हांणी दिली.

विद्यालयीन, उच्च माध्यमीक तशेच म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यां खातीर कार्यावळी जातल्यो. आदले मुख्यमंत्री तशेच देशाच संरक्षण मंत्री मनोहर पर्रीकार हांची जयंती 13 डिसेंबराक जाली. तांचे जयंती निमतान दर वर्सा विज्ञान महोत्सव जाता. मुखेल कार्यावळ एनआयओच्या सभाघरात जाता. निवडक शीक्षण संस्थेच्या विद्यार्थ्यांक महोत्सवात वाटेकार जावपाक मेळटले. हे कार्यावळीचे उक्तवान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जातले. कार्यावळीचे लायव्ह स्ट्रीमिंग हेर णव थळांनी जातले. हे णव थळांनी 4,300 विद्यार्थी वाटो घेवपाचो अदमास आसा. ह्यो कार्यावळी सकाळी 9 ते दनपारा 1 वरा मजगती जातल्यो. हे महोत्सवात देशभरातल्यान नामणेचे वैज्ञानिक, संशोधक आनी युवा प्रतिभा मार्गदर्शन करतले. नॅशनल इन्स्टीट्यूट ऑफ ओशिओनोग्राफी, मनोविकास हायस्कूल (मडगाव), जीव्हीएम दादा वैद्य कॉलेज ऑफ

एज्युकेशन (फर्मागुडी), सरकारी म्हाविद्यालय (केपे), हरमल पंचक्रोशी विद्यालय (हरमल), रवींद्र भवन (कोणकोण), सरकारी म्हाविद्यालय (साखळी), बिटस पिलानी (जुआरीनगर) आनी गोमंतक विद्यालय (तिस्क) हांगा कार्यावळी जातल्यो, अशें शिक्षण खात्यान कळीत केलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान ह्या तीन देशांच्या भोंवडेर वतात. आपल्या भेटीच्या पयल्या पांवड्यात मोदी किंग अब्दुल्लाह द्वितीय इब्न अल हुसैन हांच्या आमंत्रणाचेर जॉर्डनाक वतले. प्रधानमंत्री मोदी जॉर्डनच्या राजा बरोबर द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय पैलूंचो नियाळ घेतले आनी प्रादेशिक मुद्याचेर विचारांचो आदान-प्रदान करतले.
प्रधानमंत्री 16 डिसेंबराक इथिओपियाक वतले. मोदी हांची ही इथिओपियाची पयली भेट. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री इथिओपियाच्या प्रधानमंत्र्यांक मेळटले. भारत-इथिओपिया द्विपक्षीय संबंदांच्या सगळ्या पैलू विशीं हे भेटी वेळार व्यापक चर्चा जावपाची शक्यताय आसा.
प्रधानमंत्री आपल्या भेटीच्या निमाण्या पांवड्यात ओमानाक वतले. ते ओमानचे सुलतान हैथम बिन तारिक हांची भेट घेतले.
वेपार, गुंतवणूक, उर्जा, संरक्षण, सुरक्षा, तंत्रगिन्यान, शेती, संस्कृताय ह्या सारक्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय भागीदारीचो पुराय नियाळ हे भेटींत जातलो अशी अपेक्षा आसा.

राज्यातल्या माध्यमिक शाळांनी चलपी वेगवेगळ्या शिक्षणीक उपक्रमांक उर्बा मेळची ह्या हेतान ' सेलेब्रेटींग स्कुल लिडरशीप' कार्यावळ चालीक लावपाक प्राचार्यांनी मुखार येवंचे अशें आवाहन गोंय राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळान केलां.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आयज सकाळी 11 वरांचेर राष्ट्रपती भवनान राज कुमार गोयल हांका केंद्रीय म्हायती आयोगाचे मुखेल आयुक्त म्हणून सोपूत दिलो.

20 डिसेंबराक जावपा आशिल्ल्य उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्हो पंचायत वेंचणुकेच्या फाट्भुयेर गोय सरकारान येता त्या २० तारकेक भर-पगारि सुटि म्हल्यारुच ‘पेड हॉलिडे’ जाहीर केलया .

विज्ञान, तंत्रज्ञान खाते आनी गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या जोड पालवान अंदूचाे सातवो सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार विज्ञान महोत्सव अंदू 18 डिसेंबराक 9 थळांचेर जातलो.

पयलेच खेपे स्क्वाश विश्वचषक जिखपा खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भारतीय स्क्वाश पंगडाक परबीं दिली. सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपतीणी म्हणला की बायलां आनी दादले पंगडान आपल्या उत्कृश्ट कामगिरीन देशाक अभिमान दिसतलो असो पराक्रम केला.

केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज सेंटर फॉर डेव्हलपमेंट ऑफ टेलिमॅटिक्स (सी-डीओटी) हांकां इन्स्टिट्यूट ऑफ इलेक्ट्रिकल अँड इलॅक्ट्रॉनिक्स इंजिनियर्स स्टँडर्ड्स असोसिएशन 2025 वर्साचो कॉर्पोरेट पुरस्कार मेळपा खातीर परबीं दिली.

विमान भाड्याचेर बारीक नदर दवरपा खातीर डीजीसीए खाला काम करपी ‘टॅरिफ मॉनिटरिंग युनिट आनीक घटमूट करतले अशें आयज राज्यसभेंत प्रश्नोत्तराच्या वराक पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हांणी सांगलें

केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज सेंटर फॉर डेव्हलपमेंट ऑफ टेलिमॅटिक्स (सी-डीओटी) हांकां इन्स्टिट्यूट ऑफ इलेक्ट्रिकल अँड इलॅक्ट्रॉनिक्स इंजिनियर्स स्टँडर्ड्स असोसिएशन 2025 वर्साचो कॉर्पोरेट पुरस्कार मेळपा खातीर परबीं

दिली.सोशल मिडिया पोस्टांत सिंधिया हाणी  सांगलें की सी-डॉट भारतांतली पयली संस्था जाल्या आनी 140 वर्सां पोरन्या आयईईई कडल्यान हो पुरस्कार मेळोवपी संवसारीक पांवड्यार फकत पांचवी संस्था थारल्या. वायरलेस ब्रॉडबँड, ग्रामीण 5जी, दूरसंचार शिक्षणांत आयईईई मानकांक फुडें व्हरपाक आनी भारतांतल्यान संवसारीक मान्यताय मेळिल्लीं, मानकां आदारीत अभिनव डिझायन तयार करपाक सी-डॉटाच्या योगदानाक हो पुरस्कार  अशें तांणी मत उक्तायलें.

पयलेच खेपे स्क्वाश विश्वचषक जिखपा खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भारतीय स्क्वाश  पंगडाक परबीं दिली. सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपतीणी म्हणला की बायलां आनी दादले पंगडान आपल्या उत्कृश्ट कामगिरीन देशाक अभिमान दिसतलो असो पराक्रम केला.

काल नवी दिल्लींत जाल्ले काँग्रेसीचे रॅलींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या विरोधात दिल्या आक्षेपार्ह घोशणांचो संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी  निशेध केला. काँग्रेसीचो अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे आनी विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधीन लोकसभा आनी राज्यसभा ह्या दोनूय वेळार देशाची माफी मागची अशें तांणी सांगलें. BYTE किरेन

आयज नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना रिजिजू हाणी सांगलें कि भाजपा आनी एनडीए हांणी केन्नाच कोणाचो अनादर केल्लो ना वा कोणाच्याच जिवाक धोको निर्माण करूंक ना. विरोधकांक दुस्मान न्हय तर राजकी प्रतिस्पर्धी मानचो असो सल्लो प्रधानमंत्री मोदीनी सदांच पक्ष फुडाऱ्यांक दिला अशें तांणी सांगलें.

हे विशी निशेध उक्ताय्ताना  राज्य सभेचे फुडारी जे पी नडडा हाणी म्हणले